WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी केंद्र पुस्तकालय
Acc. No: 836

1236
DN-DEV
JAY

चड शाण्यांक फातरांचें शीत!

जयंती नायक

चड शाण्यांक फातरांचें शीत!

Konkani
Konkani in Devanagari Script - Ad-Drama
001236
L:B01-R04 (Dev.Ad)

जयंती नायक

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
836

राजाई प्रकाशन

चड शाण्यांक फातरांचें शीत

प्रकाशन क्र. १

पयली आवृत्ती : २००१

© जयंती नायक,
आमोणें,
केपें, गोंय - ४०३ ७०५

छापपी :
कस्तुरी ग्राफिक्स,
ढवळी, फोंडें , गोंय-४०३४०१.

मुखचित्र :
आनंद खवटणकार

प्रकाशक :
अवधूत आमोणकार,
राजाई प्रकाशन,
आमोणें, केपें, गोंय-४०३७०५

मोल : रु. ३०/-

CHAD SHANYANK
FATARANCHEM SHIT

Publication No.: 1

First Edition : 2001

© Jayanti Naik
Amona,
Kepem, Goa-403401

Printer :
Kasturi Graphics
Dhavali, Ponda, Goa.

Cover :
Anand Khautankar

Publisher :
Avadhut Amonkar,
Rajaee Prakashan,
Amona, Kepem, Goa-403705

Price : Rs. 30 /-

1236
JAY

चत्राय : ह्या नाटकुल्याचो प्रयोग करतना लेखिकेक मुजरत कळोवंचें.

सवंगां

कोलेश्वर

कुल्ल्यांवंती

प्रधान

प्रधानुली

सावदांमंत्री

कुकडांमंत्री

घोलमंत्रीण

खडपांमंत्रीण

राजकुंवर

राजकन्या

जाण्टेलो शिपाय

नेण्टेलो शिपाय

जाण्टेली दासी

नेण्टेली दासी

लोक

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001236

देखाव : १

थळ : कोलेश्वर रायाचो दरबार
वेळ : दीस

(पड्डो उगडटा तेन्ना प्रधान, सावदांमंत्री आनी कुकडांमंत्री तिगूय दरबारांत आप-आपल्या आसनार बशिल्ले दिसतात. जाण्टेलो शिपाय दार राखता. तिगीय कोलेश्वराची वाट पळयतात. मदीं मदीं हळू हळू आवाजात उलयतात. इतल्यांत - - - -)

जाण्टेलो शिपाय: (व्हडल्या आवाजात) सावधान! बुदवंतांतलो बुदवंतऽऽ, शाण्यांतलो शाणोऽऽ, नाडांतलो नाडऽऽ, कोलेश्वर म्हाराजऽऽऽ आपल्या दरबारांत रोकडोच भितर सरता!.... सगळे तय्यार रावात!

(प्रधान आनी मंत्री गडबडटात, बेगीबेगीन उबे रावतात. इतलें म्हणसर कोलेश्वर म्हाराज झेत काडीत दरबारांत भितर सरता. आपल्या शिंवासनाकडेन वचूंक वता. ताच्या फाटोफाट नेण्टेलो शिपाय तरसाद घेवन भोंवता.)

प्रधान :
सावदांमंत्री } : कोलेश्वर म्हाराजाचो जय जावं!
कोलेश्वर म्हाराजाचो जय जावं!
कुकडांमंत्री :

कोलेश्वर : (शिंवासनाचेर बसत) बसात! बसात! सगळेजाण बसून घेयात! (कांय वेळ हेवाटेन तेवाटेन पळयता. सगळ्यांचेर नदर घालता) प्रधानजीऽऽ!

प्रधान : (उबो रावन) आदेश म्हाराज!

कोलेश्वर : आमगेले सगळे मंत्री-मानकरी सभेक हाजीर जाले?

प्रधान : हय म्हाराज, जाले.

कोलेश्वर : तशें जाल्यार वेळ कित्याक? आयच्या सभेच्या वावराक कर बेगीन सुरवात.

प्रधान : करतां म्हाराज. (ताळो खांकरून) तर हांगा एकठांय जाल्ल्या, ह्या कोलेश्वर राज्यांतल्या ल्हान-व्हड कोल्यांनो, आयची ही सभा एका खाशेल्या कारणाखातीर आपयल्या -

कोलेश्वर : कारण सांग!

प्रधान : कारण आनी कित्याक सांगूंक जाय म्हाराज? ... कारण सगळ्यांक खबर आसाच!

कोलेश्वर : खबर आसलें म्हुणून उपकारना, सभेच्या नेमाप्रमाण आतां तुवें तें हांगा सांगूंकच जाय!

प्रधान : (मात्सी लज जावन) सांगतां ... सांगतां म्हाराज .... तर, ह्या कोल्यांपूर राज्याच्या म्हाराजानोऽऽ, मंत्र्यांनोऽऽ आनी सगळ्या मानकऱ्यांनोऽऽ! आज आमच्या सगळ्यांचेर एक मोट्टें संकश्ट आयलां. फाटल्या कांय दिसांसाकून आमच्या राज्यांतल्या लोकांची उपासमार जाल्या! एक कुकड न्ही, तर कुकडाचें एक पांख बुसून आमकां खावपाक ना जालां! तेखातीर ह्या संकश्टांतल्यान कितेंय पुणून वाट काडपाखातीर आमगेल्या म्हाराजान ही आयची सभा आपयल्या!

कोलेश्वर : पूण प्रधानजी, आमगेल्या राज्याचेर हें अशें अकस्मांत संकश्ट कशें आयलें? (तापून) सावदांमंत्री ऽऽ! कुकडांमंत्री ऽऽ! तुमी दोगूय करतात कितें रें ? राज्यांतल्या लोकांक लागतां तें जेवण तयार करून दिवपाचें काम तुमचें म्हरे?

सावदांमंत्री : (कोलेश्वरामुखार दिमी मारून हात जोडटा) म्हाराज, म्हजो कांयच गुन्याव ना. हांव म्हजें काम बेस बरें करतां, पूण आतां रानांत आदलेसारकीं सावदांच मेळनात! चडशीं

रानांतल्या वाग-शिवांनी खावन वडयलीं! थोडीं कांसादोरांनी माल्लीं!... आतां उरल्यांत तीं राखूंक सरकारान रानखात्याचे मनीस दवरल्यात.... ते रानांतलें सावद खंयचें, तेंचो वास बुसून आमकां लगूंक दिनात!

कुकडांमंत्री : (दिमी मारून) म्हजीय कांयच चूक ना म्हाराज. लोकांक खावंक घालपाक फाटल्या कितल्या दिसांसाकून म्हाका एकूय कुकड मेळना. गांवांतले चडशे लोक आतां गांव सोडून शारांनी रावपाक गेल्यात न्ही? तशे कांय लोक गांवांत आसात, पूण तांकां आतां कुकडां पोसपाची गरजच ना जाल्या. बाजारांत खंय तांकां आतां व्हडल्याऽऽ कोंबयांचीं जाय तितकीं तांतयां आनी मांस मेळटा!

प्रधान : आमगेले दोनूय मंत्री एकदम खरें सांगतात म्हाराज. ते बाबडे सकाळीं उठून भोवंडेक वतात ते रातचे परत येतात. पूण बाबड्यांच्या हातीक कांयच लागना!.... मागीर लोकांक जेव्रण तरी ते कशे दितले?

कोलेश्वर : अशें!... अशें! (कांय वेळ येवजितां) प्रधानजी, ह्या संकश्टांतल्यान वाट काडूंक आमी कितें करया अशें तुमचें म्हणणें?

प्रधानजी : आमचें म्हणणें कांय ना म्हाराज, कितें करपाचें तें तुमीच सांगपाचें!

कुकडांमंत्री } :
सावदांमंत्री } : तुमचेपरस आमची तकली खंय चड चलता?

कोलेश्वर : (येवजून, उमेदीन) प्रधानजी ऽऽ, आमी अशें केल्यार कशें?

प्रधान : कशें???

कोलेश्वर : आमी सगळ्यांनी आमगेल्या बायल-भुरग्यांक घेवन आतां शारांनीच रावंक गेल्यार कशें?.... थंय कुकडांचें, बोकडांचें आनीं दुकराचें लेगींत मांस मेळपाचीं व्हडलीं व्हडलीं दुकानां आसात खंय! ते भायर वचत थंय कोंबयांचीं तांतयां विकूंक दवरिल्लीं आसतात खंय!... तेन्ना आमकां शारांत गेल्यार भरपूर खावंक - जेवंक मेळटलें!

प्रधान : खावंक - जेवंक भरपूर मेळटलें खरें म्हाराज, पूण आमी थंय रावतले खंय? लिपतले खंय? शारांत लोकांची हीऽऽ गर्दी आसता! तेभायर मोठ -मोठीं दुकानां राखूंक आर्मांद गुरखे आसतात!

सावदांमंत्री } : (कडकडत) आर्मांद गुरखे???... नाका म्हाराज आमकां
कुकडांमंत्री } : तें शार आनी तें खावंक! खाणांचे आशेक गेल्यार आमचो जीव ना जायत!

प्रधान : आमचे मंत्री सांगतात तें एकदम खरें म्हाराज! आमकां आमचें रानच बरें. आमी हांगाच रावया आनी ह्या प्रश्नाचेर

वाट काडया.

कोलेश्वर : बरें. बरें. आनी कितेंय सुचता जाल्यार पळयतां हांव! (येवजिता) शे! प्रधानजीऽऽ!

प्रधान : आदेश म्हाराज.

कोलेश्वर : कांयच सुचना म्हरे म्हाका! कितें करपाचें?

प्रधान : सुचतलें म्हाराज, सुचतलें. मात्शें थंडपणान विचार करात.

कोलेश्वर : अशे? बरें. (कपलार हात घेवन बसता. प्रधान आनी दोगी मंत्रीय कपलार हात घेवन बसतात.)

जाण्टेलो : म्हाराज, हांव एक उपाय सांगूं?

कुकडांमंत्री }
सावदांमंत्री } : तूं?... आनी उपाय? (खी खी करून हांसतात).

प्रधान : येद्या व्हडल्या आमगेल्या म्हाराजाची तकली चलना थंय तुजी चलतली?

कोलेश्वर : प्रधानजी, मात्सो वोगी राव पळोवया. उलोवंदी ताका! तो आमगेल्या राज्यांतलो सगळ्यांत जाण्टो मनीस! आमचे परस ताका संवसाराचो अणभव चड आसा. (मोगाळ आवाजांत) जाण्टेल्या, चल उलय तूं तुज्या मनांतलें.

जाण्टेलो : म्हाराज, आमचेर आयिल्ल्या संकश्टांतल्यान वाट काडूंक म्हाका एक उपाय सुचता. तो म्हणजे, तेऽऽ न्हंयेचे धडेर आशिल्ल्या कुल्ल्यांवंती राज्यांतल्यो कुल्ल्यो धरून खावप.

प्रधान }
दोगूय मंत्री } : हॅऽऽ हॅऽऽ हॅऽऽ! इतलेंच म्हरे? हें सांगपाक तूं जाय?

कोलेश्वर : (तापून) तुमी वोगी रावात रे! (ते वोगी जातात) आं! तर जाण्टेल्या, तुवें सांगिल्लो उपाय बेस बरो आसा. पूण तो साध्य करप कसो? आमकां पळयतनाच त्यो कुल्ल्यो मारतात खडपांपोंदांनी धांव! तांच्या खडपांमंत्रिणीन तांच्यो घोली

भोव खोलाक बांदल्यात. थंय कशेच आमचे हात पावचेनात!

जाण्टेलो : ताचेरच उपाय येवजला म्हाका. आमी त्या कुल्ल्यावंती राज्याकडेन सोयरीक जोडपाचें नाटक करया. आमगेल्या राजपुत्रालें आनी कुल्ल्यांवंती राजकन्येलें लग्न थारोवया. लग्नाक तांकां न्हंयच्या पाऱ्यार आपोवया. त्यो थंय आयल्यो म्हण्टकच तांकां आमी खावया!

कोलेश्वर : वा! वा! जाण्टेल्या कितें उपाय रे तुगेलो! आमगेली कोली म्हाराणी हें आयकल्यार सामकी खूश जातली! तिका कितल्या दिसांसाकून कुल्ल्यो खावपाची रूच आयल्या.

जाण्टेलो : तर म्हाराज, आजच प्रधानसायबाक धाडात कुल्ल्यांवंती राज्यांत सोयरिकेक.

प्रधान : म्हाराज, म्हाका दिसता, म्हज्या वदला ह्या जाण्टेल्याकच तुमी थंय धाडल्यार बरो. ताची तकली एकदम बरी चलता. तो कुल्ल्यांवंती राणयेक बेसबरो बनयतलो!

कोलेश्वर : हें मात खरें तुजें हां प्रधानजी. जाण्टेल्याची बुध्द बरी आसा. शिवाय सोयरिकेचें काम म्हण्टात तें जाण्टेल्यांनीच करपाचें न्ही?

प्रधान : एकदम खरें म्हाराज!

कोलेश्वर : जाण्टेल्या, तूं वता म्हरे सोयरिकेक? आयच्या आयज वच. वेळ व्हगडायनाका. आमगेल्या सगळ्या कोल्यांचो भुकेन जीव वचपाकडेन पावला. तूं परांचो, पुनवेरातचो म्हुर्त थारावन यो.

जाण्टेलो : म्हज्या हातांतल्यान राज्यभर कोल्यांचे वरें जाता, तर हांव फाटीं कित्याक सरता?... पूण... पूण म्हाराज....

कोलेश्वर : कितें जाण्टेल्या?

जाण्टेलो : म्हाराज, सोयरिकेक वतलो जाल्यार आंगार बरे कपडे

नाकात? ... हे पळय सामके पिंजल्यात.

कोलेश्वर : इतकेंच म्हरे ? दिले तुका नवे कपडे!

जाण्टेलो : ....आनी....आनी

कोलेश्वर : आनी कितें?

जाण्टेलो : पांयांक जोतें नाका वचपाक?

कोलेश्वर : पावलें तुका एका पांयांक जोतें!

जाण्टेलो : आनी...

कोलेश्वर : सांग, मात पूण फाटीं येयनासतना सांग.

जाण्टेलो : म्हाराज, हांव जाला आतां म्हातारो! म्हज्यान काय आतां धड चलूंक जायना... आनी तें कुल्ल्यांवंती राज्य आसा पयस! तेन्ना तूं ह्या नेण्टेल्याक मात्सो म्हज्या बरोबर धाड. ताच्या घोड्यार बसून हांव वतां.

कोलेश्वर : हेंच म्हरे? धाडया. नेण्टेल्याऽऽ.

नेण्टेलो : आदेश करात म्हाराज.

कोलेश्वर : ह्या जाण्टेल्याक तुज्या घोड्यार बसय आनी व्हर बेगीन ताका कुल्ल्यांवंती राज्यांत!

नेण्टेलो : जशी आदन्या म्हाराज. (जाण्टेल्यामुखार फाट करून उबो रावता.) बस जाण्टेल्या, म्हज्या घोड्यार. (जाण्टेलो वचून ताच्या घोड्यार बसता)

कोलेश्वर : प्रधानजी, तूं ह्या जाण्टेल्याबरोबर आमगेल्या वस्त्र आनी पांयतणां भांडारांत वच आनी ताका बेगीन बरे कपडे आनी उजव्या पांयांक एक चप्पल दिवपाची वेवस्था कर.

प्रधान : करतां म्हाराज (वचूंक वता).

कोलेश्वर : आनी आयक....

प्रधान : कितें म्हाराज?

कोलेश्वर : हें पळय, पराच्या दिसाभितर लग्नाक लागता तितकी सगळी तयारी कर.

प्रधान : हां म्हाराज.

कोलेश्वर : सावदांमंत्रीऽऽ, लोकांक कळोवपाचें काम तुजें. राज्यांतल्या सगळ्या ल्हान-व्हडांक जेवंक जाय जाल्यार तांणी पुनवेरातचें काळोख पडटकच हांगा जमात म्हुणून सांग.

सांवदांमंत्री : बरें म्हाराज.

कोलेश्वर : कुकडांमंत्रीऽऽ.

कुकडांमंत्री : आदेश म्हाराज.

कोलेश्वर : लग्नाक वाजप हाडपाची जवावदारी तुजी! कळ्ळें?

कुकडांमंत्री : कळ्ळें म्हाराज.

कोलेश्वर : तर म्हज्या मोगाळ कोल्यांनो, आयची ही सभा आमी हांगाच सोंपोवया. आतां आमी सगळ्यांनी पुनवेरातचें व्हीर भायर काडूंक हांगा जमपाचें! (कोलेश्वर शिंवासनावयलो उठून वता. सगळेजाण ताचो जयजयकार करतात. पड्डो पडटा.)

❑ ❑ ❑

देखाव : २

थळ : कुल्ल्यांवंती राणयेचो दरबार
वेळ : दीस

(पड्डो उगडटा तेन्ना दरवाराचो वावर चालू आसता. कुल्ल्यांवंती राणी शिंवासनाचेर बसल्या. प्रधानुली, घोलमंत्रीण आनी खडपांमंत्रीण आप-आपल्या आसनांचेर बसल्यांत. जाण्टेली दासी दार राखता. नेण्टेली दासी राणयेक आयण्यान वारो घालता.)

कुल्ल्यांवंती : प्रधानुले, आमगेल्या कुल्ल्यांवंती राज्याची खबर कितें? आमगेली प्रजा कशी असा?

प्रधानुली : (उठून उबी रावन) म्हाराणी, आमगेल्या राज्याची सगळी खबर वरी. राज्यांतले सगळे लोक सूख-समाधानान आसात. सगळ्यांक जेवंक - खावंक पोटभर आसा. कोणूच दुख्खी ना.

कुल्ल्यांवंती : (उमेदीन) हय? आयकून व्हड खोस भोगली म्हाका! (मात्शें येवजून) पूण राज्यात कोणाल्या घरांनी झगडीं बी जायनात मूं?

प्रधानुली : राज्यांतल्या घरांचेर देखरेख दवरपाचें काम आमगेल्या घोलमंत्रिणीचें. तेन्ना ताची माहिती तीच बरी दितली तुमकां!

घोलमंत्रीण : (मुखार येत) ना म्हाराणी, आमगेल्या राज्यांत खंयच्याच घरांत झगडीं जायनात. घरांतलो प्रत्येक जाण आपलें काम वेवस्थीत करता. हांगा जोडून हाडपाचें काम आमगेल्यो कुल्ल्यो बरेतरेन करतात. कुल्ले घर बेस बरें सांबाळटात आनी आमगेलीं धाकटुलीं कुल्लुरां किडी-जीव धरपाचें शिकप जाण्ट्यांकडल्यान आवडीन घेतात.

कुल्ल्यांवंती : (खोशाल जावन) जावं ! अशेच तरेन राज्यांत सगळें सुखान चलूं ! बस तूं आतां. प्रधानुलेऽऽ, आमगेल्यां राज्याची राखणे वेवस्था कशी आसा ? घरांतच सुशेग आसलो म्हुणून जायना, दुस्मानापासूनय राज्य सुगूर उरूंक जाय !

प्रधानुली : आमगेल्या राज्याची राखणे अधिकारी खडपांमंत्रीण. तेन्ना ही माहिती तीच दितली.

खडपांमंत्रीण : (उठून उबी रावन) म्हाराणी, तुमी कांयच हुस्को करपाची गरज ना. आमगेली राखणे वेवस्था एकदम बरी आसा. सगळ्या कुल्ल्यांक आमी खडपांपोंदांनी सामक्योऽऽ भित्तर घोली बांदून दिल्यात. जनावर खंयचें ? कोणा मनशाचो वुसून थंय हात पावचोना. आनी समजा पावलोच तर आपले दांगे मारून ताचीं बोटां फोडपाचें शिकप हांवें ल्हान - व्हड कुल्ल्यांक दिलां.

कुल्ल्यांवंती : (खोशयेन) अशें ? शाब्बास ! प्रधानुले, म्हाका दिसता हांवें आतां राज्याचो कसलोच हुस्को करपाची गरज ना !

प्रधानुली : खरें म्हाराणी, तुमी आमगेल्या राज्याचो इल्लोय हुस्को करनाकात. आतां तुमी तुमगेल्या म्हालांत वचून सुशेगाद न्हिदात !

कुल्ल्यांवंती : हय. हय. तशेंच करतां हांव. (शिंवासना वयली उठूंक लागता)

जाण्टेली : (फाटीं फुडें जायत) राणीसायबिणी . . . राणीसायबिणी . . . हांव एक उलोवं ?

प्रधानुली : (मात्शी धेकणेवन) तुजें आनी आतां कितें उलोवपाचें उरलां ? म्हाराणीक आतां वचून विसव घेवंदी ! सकाळच्यान दरबाराचें काम पळोवन पुरो जालां तिका !

कुल्ल्यांवंती : (उठिल्ली ती परत बसत) तिका उलोवंदी प्रधानुले, तिका

आडायनाका! ती आमगेल्या राज्यांतली सगळयांत जाण्टी कुल्ली. ती कितेंय उलोवंक सोदता जाल्यार तातूंत आमचें बरेंपणच आसतलें! (आवाज म्होवाळ करीत) आज्जे, उलय तुका कितें उलोवपाक जाय तें!

जाण्टेली : (गंभीर जावन) राणीसायबिणी, वदळच्यान हांगा जें कितें उलोवप जालें तें सगळें हांवें आयकलें..... आमगेल्या घोलमंत्रिणीन राज्यांतल्या घरांनी सुख-समाधान आसा म्हुणून सांगलें. खडपांमंत्रिणीन राखणेवेवस्था चोख आसा म्हुणून माहिती दिली. हाचेवयल्यान राज्याचो कसलोच हुस्को करपाचो ना अशें सगळयांचें एकमत जालां. पूण... पूण...

कुल्ल्यांवंती : (गोंदळून) पूण कितें जाण्टेले? ... सांग बेगीन तुज्या मनांत कितें आसा तें!

जाण्टेली : तुमी समजतात तशें ह्या राज्याचें सुशेगादीन ना सायबिणी!

कुल्ल्यांवंती : (अजाप जावन) सुशेगादीन ना?

जाण्टेली : हय राणीसायबिणी, सुशेगादीन ना! कारण... कारण म्हाका एक वास लागला.

कुल्ल्यांवंती : वास??

जाण्टेली : हय वास!... आमचेर येवपी एका व्हडल्या संकश्टाचो वास!

कुल्ल्यांवंती : संकश्ट?

प्रधानुली : संकश्ट?

घोलमंत्रीण :
खडपांमंत्रीण } : ... सं ... क..... श्ट....????
नेण्टेली :

जाण्टेली : हय संकश्ट! म्हासंकश्ट!

कुल्ल्यांवंती : कसलें तें?... कितें कळ्ळां तुका?... सांग बेगीन! आयकतसर थार ना पळय म्हाका!

जाण्टेली : राणी सायबिणी, अशी उंचाबळ जायनाका. मात्सो थार धर! म्हाका कितें कळ्ळां तें सांगतां हांव तुमकां!.... तर आयकात. त्याऽऽ कोल्यांपूर राज्यांत खंय सद्दयाक व्हडलो दुकोळ पडला. थंयच्या कोल्यांक खंय खावपाक - जेवपाक कांयच ना जालां.... म्हुणूनच... म्हुणूनच सायबिणी म्हाका आमच्या कुल्ल्यांचो हुस्को जाला. कोले ते! नाड बुद्दिचे! रानांत कांयच खावंक मेळना म्हण्टकच ते आतां आमगेल्या राज्याचेर दोळो दवरतले..... आमकां खावपाचें कितेंय पुणून कारस्थान करतले....

कुल्ल्यांवंती : (येवजणेंत पडटा) खरें तुजें आज्जे! रानांत पोटाक कांय मेळना म्हण्टकच कोले आतां न्हंयेचे धडेर येतलेच येतले! (भायर गडबड चल्ल्या ती आयकूंक येता)

कुल्ल्यांवंती : कसलो बोवाळ चल्ला भायर? कोण आयला? नेण्टेले, वच आनी भायर कितें घडलां तें पळोवन यो.

नेण्टेली : जशी आदन्या म्हाराणी. (मुजरो करून भायर वता, तीच रोकडी परतता.) म्हाराणी... म्हाराणी.... भायर कितें घडलां तें जाणां?

कुल्ल्यांवंती : (अजापीत) कितें घडलां??

नेण्टेली : (कडकडत) भायर... भायर... एका नेण्टेल्या कोल्याचे फाटीर बसून एक जाण्टेलो कोलो आयला!

कुल्ल्यांवंती : कोलो... ??

प्रधानुली : को... लो..?

घोलमंत्रीण } :
खडपांमंत्रीण } : आगे म्हजे बाये!... कोलो!

नेण्टेली : हय म्हाराणी कोलो आयला भायर. तो तुमची भेट घेवंक सोदता. पूण ताका आमगेल्या दरवटद्याराखण्यांनी भायरच आडावन दवरला.

कुल्ल्यांवंती : जाण्टेले, तुवें सांगिल्लें तशेंच जालें! कितें तरी कारस्थान रचून कोलो आयला खंय भायर!.... आतां कितें करपाचें? कशें सांबाळपाचें म्हजें हें राज्य?

जाण्टेली : राणीसायबिणी, अशी भिवनाका! धीर धर! तूं आमगेली येदी व्हडली शूर म्हाराणी. तुवें भिल्यार कशें जातलें? तकली जाग्यार दवरून ह्या संकश्टांतल्यान आमी कितेंय पूण वाट काडूंक जाय! त्या कोल्यांक तांचीच नाडबुद्द वापरून मारूंक जाय!

कुल्ल्यांवंती : म्हाका तुजें सांगणें पट्टा आज्जे! पूण आमी कशें करपाचें?.... कांयच सुचना पळय म्हाका.

जाण्टेली : तुका सुचना जाल्यार हांव एक बुद्द सांगतां राणीसायबिणी. तूं कितें कर? त्या कोल्याक भितर आपोवन घे. तो कितें सांगता तें बरेतरेन आयकून घे. तो कितें सांगता ताका तयार जा. ताच्या हयाक हय म्हण. ताचो दुश्ट हेतू आमकां कळ्ळा म्हणपाचो ताका इल्लोय दुबाव लागूंक दिवनाका. कळ्ळें?

कुल्ल्यांवंती : हय आज्जे, कळ्ळें.

जाण्टेली : त्या कोल्यांचें कितें कारस्थान आसा तें सारकें समजूनच आमी ताचेर मार्ग काडया.

कुल्ल्यांवंती : तुवें सांगलां तशेंच करतां हांव आज्जे. नेण्टेलेऽऽ, चल वच आनी त्या कोल्याक, भितर घेवन यो.

नेण्टेली : आदन्या म्हाराणी.

(वता आनी जाण्टेल्या कोल्याक घेवन येता. तो नेण्टेल्या कोल्याचे फाटीर बसून दरबारात येता. जाण्टेल्याचा आंगार नवे कपडे आनी एका पांयांक जोतें आसा.)



जाण्टेलो कोलो : (नेण्टेल्याच्या फाटीवयलो देंवत) कुल्ल्यांवंती म्हाराणीचो जय जावं ! कुल्ल्यांवंती म्हाराणीचो जय जावं !
(जाण्टेलो फाटीवयलो देंवतकच नेण्टेलो कोलो एका कोनशाक वचून घट उबो रावता.)

कुल्ल्यांवंती : येवकार ! ह्या कुल्ल्यांवंती राज्यांत तुका येवकार जाण्टेल्या !

जाण्टेलो कोलो : हांव कोल्यांपूर राज्याचो दूत. कोलेश्वर रायालो एक संदेश घेवन हांगा आयला.

कुल्ल्यांवंती : जाण्टेल्या, बसून घे पयलीं. प्रधानुले, ह्या जाण्टेल्याखातीर योग्य आसनाची वेवस्था कर.

जाण्टेलो : नाका म्हाराणी, आसन नाका. म्हजेकडेन वसपाक इल्लोय वेळ ना. तुमचेकडल्यान उतर घेवन आयच्या आज राज्यांत परतो यो अशी कोलेश्वर रायाची म्हाका वर्द आसा.

प्रधानुली : (कमराची तरसाद उखलीत)... उतर ?.... कसलें उतर ?

कुल्ल्यांवंती : (दपकायत) प्रधानुले, शांत राव ! वोगीच गडबड करनाका. हो जाण्टेलो दूत म्हुणून हांगा आयला. ताका ताचें काम

करूंदी! (कोल्याक) उलय जाण्टेल्या, सांग तुज्या रायाचो संदेश!

जाण्टेलो : (ताळो खांकरून झेत हाडीत) म्हाराणी, आमगेलो राय ह्या कुल्ल्यांवंती आनी कोल्यांपूर राज्यांमदीं आशिल्लें वर्सां संकींचें दुस्मानपण सोपोवंक सोदता. तेखातीर ताणें एक उपाय काडला.

कुल्ल्यांवंती : कसलो उपाय?

जाण्टेलो : तुमगेले राजकन्येक आमगेल्या राजकुंवराखातीर मागणी घालूंक रायान म्हाका हांगा धाडला. हें लग्न करून दोनूय राज्यांमदलें दुस्मानपण सांसणाचें सोंपोवचें असो आमगेल्या रायाचो विचार आसा...

प्रधानुली : म्हजो ह्या लग्नाक खर विरोध आसा!

घोलमंत्रीण :
खडपांमंत्रीण : } कोल्यांचो ह्या फाटल्यान कितेंय पुणून वायट हेतू आसा!

जाण्टेलो : ना म्हाराणी, हातूंत आमगेल्या म्हाराजाचो कसलोच वायट हेतू ना! देवाच्यान तर! आमगेल्या म्हाराजाक खऱ्यांनीच हे फुडें दोनूय राज्यांनी मायेमोगान रावचेशें दिसता!

कुल्ल्यांवंती : (विचार केल्ल्याचें नाटक करून) जाण्टेल्या, म्हाका मान्य आसा ही सोयरीक! हांव तयार आसा म्हजी कन्या तुमगेल्या राजकुंवराक दिवपाक!

जाण्टेलो :(उमेदीत जावन) ख...ऱ्यां...नी..च...म्हा...रा...णी? तुमगेल्या तोंडांत साखर पडूं! आमगेल्या म्हाराजाक ही खबर आयकून खूब्बऽऽ खोशी जातली!

कुल्ल्यांवंती : कोलेदादो, लग्नाचो म्हुर्त केन्ना थारावया रे?

जाण्टेलो : ताचोय विचार केला आमगेल्या म्हाराजान. येता ते पुनवेरातचो बारा वरांचो म्हुर्त मानवला तांकां.

कुल्ल्यांवंती : पुनवेक? पुनवेक कशें जातलें रे? पुनवेक तर तिनूच दीस उरल्यात. आमची तयारी जावपाक नाका?

जाण्टेलो : म्हाराणी, आमगेल्या म्हाराजान सांगलां, तुमी कांयच तयारी करपाची ना. सगळी तयारी आमी करतले. जेवण-खाण, माटोव-फुलां, अक्षदां-वाजप... सगळें आमी हाडटले. तुमी फकत व्हंकलेक घेवन तेऽऽ न्हंयेचे धडेर पाशाणी पाऱ्यार जमपाचें!

कुल्ल्यांवंती : तशें जाल्यार बरें आसा. करया पुनवेक लग्न. येयात तुमी न्हवऱ्याक घेवन.

जाण्टेलो : बरें तर म्हाराणी, येतां हांव. (कुल्ल्यांवंतीक मुजरो करून नेण्टेल्या कोल्याच्या घोड्यार बसून वता. ताचे फाटोफाट प्रधानुली आनी दोगूय मंत्रिणी आपल्यो तरसादी वावुडीत धांवतात.)

प्रधानुली : चोर!

खडपांमंत्रीण : फटींग!

घोलमंत्रीण : नाड!

नेण्टेली दासी : बरो आयला सोयरिकेचें नाटक करून! आमगेली म्हाराणी कितें पिशी समजला?

कुल्ल्यांवंती : आज्जे, आतां कितें करपाचें? तुवें सांगिल्ल्या प्रमाण हांवें तांच्या लग्नाच्या कारस्थानाक हय म्हणलां!... मुखार कसो मार्ग काडपाचो?

जाण्टेली : राणीसायविणी, अशी लागीं यो. कान हे वाटेन कर. (राणी शिंवासनावयली उठून जाण्टेलेच्या म्हऱ्यांत येता. जाण्टेली तिच्या कानांत फुतफूतता) कळ्ळें?....

कुल्ल्यांवंती : (उमेदीन, मान हालयत) हय हय कळ्ळें! प्रधानुलेऽऽ

प्रधानुली : आदेश म्हाराणी.

कुल्ल्यांवंती : येता त्या तीन दिसांभितर न्हंयेचे धडेवयल्या त्या पाऱ्यार, राज्यांतल्या कुल्ल्यांकणकणी एक एक घोल खणपाची वेवस्था कर. खडपांमंत्रिणीक तसो आदेश काड. तशेंच घोलमंत्रिणीक सांग, राज्यांतल्या सगळ्या कुल्ल्यांक, जाण्टीं आनी भुरगीं सोडून, सगळ्यांक घोली खणपाच्या वावराक घेवन यो म्हुणून.

प्रधानुली : बरें म्हाराणी.

कुल्ल्यांवंती : घोलमंत्रिणीऽऽ, खडपांमंत्रिणीऽऽ!

घोलमंत्रीण :
खडपांमंत्रीण : आदन्या म्हाराणी.

कुल्ल्यांवंती : आमच्या राज्याचो फुडार आतां तुमच्या हातांत आसा. तुमी जितलें काम चोख करतलीं, तितली आमच्या कुल्ल्यांक बरी राखण मेळटली!

घोलमंत्रीण :
खडपांमंत्रीण : तुमी तेखातीर कांयच चिंता करनाकात म्हाराणी, आमी आमगेली सगळी विद्या आनी शक्त पणाक लावन काम करतलीं!

कुल्ल्यांवंती : चलात तर बेगीन, लागात आप-आपल्या कामाक. आतां इल्लोय वेळ व्हगडायनाकात. हांवूय ही गजाल कुल्ल्यांराजाच्या कानार घालूंक भितर म्हालांत वतां. तांकांय धाडटां तुमच्या आदाराक!

(कुल्ल्यांवंती उठून भितर वचपाक वता. सगळी जाणां उबीं रावन 'कुल्ल्यांवंती म्हाराणीचो जय जावं' म्हुणून घोशणा दितात. पड्डो पडटा.)

❑ ❑ ❑

देखाव : ३

थळ : कोलेश्वराचो दरबार

वेळ : तिळसांज

(पड्डो उगडटा तेन्ना कोलेश्वर अस्वस्थपणान पासयो मारता. ताच्या फाटोफाट प्रधान भोंवता. नेण्टेलो शिपाय दार राखता.)

कोलेश्वर : प्रधानजीऽऽ!

प्रधान : आदेश म्हाराज.

कोलेश्वर : जाली सगळी तयारी?

प्रधान : हय म्हाराज.

कोलेश्वर : राज्यांतले सगळे लोक येतले म्हरे?

प्रधान : हय म्हाराज, येतले!

कोलेश्वर : (याद जावन) आरे, पूण आमगेले सावदांमंत्री आनी कुकडांमंत्री खंय गेले तर रे?

प्रधान : सावदांमंत्री गेला लोकांक हाडूंक, कुकडांमंत्री गेला वाजप हाडूंक.

कोलेश्वर : अशें. अशें. (परतून पासयो) प्रधानजी.

प्रधान : कितें म्हाराज?

कोलेश्वर : आमगेल्या कुकडांमंत्र्याक आनी सावदांमंत्र्याक इतको वेळ कित्याक रे?

प्रधानजी : येतले ते म्हाराज. येवपाचेच जाले.

कोलेश्वर : येवपाचे जाले? (तापून) केन्ना येवपाक रावल्यात तर रे ते? तिळसांज जाली म्हरे! आं! वेळ कितको जालो तें खबर ना रे तांकां?

प्रधान : आसतली म्हाराज. जरूर खबर आसतली तांकां!

कोलेश्वर : काळोख पडलो तसो न्हवऱ्याक घेवन भायर सरचें अशें थारिल्लें म्हरे आमगेलें? आतां पावतले म्हरे आमी वेळार?

प्रधान : मात्सी कळ काडात म्हाराज. येतले ते रोकडेच. आजून व्हडलो वेळ जालोना. पावतले आमी म्हुर्तार!

(इतक्यांत नेण्टेलो शिपाय धांवत भितर येता.)

नेण्टेलो : म्हाराज... म्हाराज भायर सावदांमंत्री आनी कुकडांमंत्री आयल्यात. भितर येवूं काय म्हुणून विचारतात.

कोलेश्वर : येवूं काय म्हुणून कितें विचारतात खंय ते? सडसडीत सरात सांग तांकां भितर!

(नेण्टेलो भायर धांवता. रोकडोच सावदांमंत्री भितर सरता. शक्य आसल्यार ताच्या फाटल्यान थोडो लोक भितर येवचो. फाटोफाट कुकडांमंत्री. ताच्या गळ्यांत धोलकें आसा.)

सावदांमंत्री }
कुकडांमंत्री } : कोलेश्वर म्हाराजाचो जय जावं! कोलेश्वर म्हाराजाचो जय जावं!

कोलेश्वर : (तापून) खंय रे तुमी? कितको वेळ?... आं! तुमचेर सोंपयिल्ल्या कामाचें किते जालें?

सावदांमंत्री : म्हजेर सोंपयिल्लें काम हांवें बरेतरेन केलां. गांवच्या सगळ्या लोकांक हांव घेवन आयला. ते पळय सगळे जाण भायर रावल्यात. (भायल्यान लोक कोलेश्वराचो जयजयकार करतात.)

कोलेश्वर : (खूश जावन) शाब्बास! शाब्बास!... आनी तुज्या कामाचें कितें रे?

कुकडांमंत्री : हे पळय म्हाराज, लग्नाक जाय तें वाजप हांव घेवनच आयलां. (गळ्यांतलें धोलकें ढब ढब करून वाजयता.)

कोलेश्वर : भले शाब्बास ! म्हज्या मोगाळ मंत्र्यांनो, तुमचेर हांव सामको खूश जालो. प्रधानजीऽऽ,

प्रधान : आदन्या म्हाराज.

कोलेश्वर : आतां आमी आनीक वेळ व्हगडावनये. रोकडोच व्होर घेवन पाऱ्यार या.

प्रधान : हय म्हाराज, म्हाकाय तशेंच दिसता.

कोलेश्वर : नेण्टेल्या, भितर म्हालांत वच आनी आमगेले कोलये म्हाराणीक सांग, राजकुंवराक न्हेसोवन भायर घेवन यो म्हुणून.

नेण्टेलो : सांगतां म्हाराज. (भितर वता)

कोलेश्वर : (अचकीत याद जावन) प्रधानजी, आरे सगळे आयले पूण आमगेलो जाण्टेलो खंय गेलो? सांजवेळच्यान खंय दिसलो ना तो म्हाका !

प्रधान : हय न्ही म्हाराज? खंय गेलो तो... खंय गेलो तो... (वांटकुळो घुंवत जमनीर सोदता. ताच्या फाटोफाट दोगूय मंत्री घुंवतात. इतक्यांत नेण्टेलो गडबडीन भितल्ल्यान भायर येता. तशे हे घुंवपाचे थांबतात.)

नेण्टेलो : म्हाराजऽऽ म्हाराणीन विचारलां, न्हवऱ्याचें बाशींग खंय काय म्हुणून?

कोलेश्वर : वाशींग?... प्रधानजी. न्हवऱ्याचें बाशींग खंय?

प्रधान : (भीत) बा...शीं...ग? आ...! विसरलो म्हाराज. यादूच उरलिना म्हाका बाशींग हाडपाक.

कोलेश्वर : (तापता) याद उरलिना? कशी उरलिना? आतां कितें करपाचें? एका वाशिंगाक लागून आमचो सगळो बेत फसपाचो म्हरे?

जाण्टेलो : (भितर येत) कांयच फसपाचो ना म्हाराज. हें घेयात बाशींग. ताचीच याद जावन हांव तें हाडूंक बाजारांत

गेल्लों. (बाशींग काडून कोलेश्वराकडेन दिता.)

कोलेश्वर : (उमेदीन) हाका म्हण्टात जाण्टेल्यांची तकली! ना जाल्यार आमगेल्या प्रधानजीची याद...! आसूं. जालें तें जालें. जाण्टेल्या, हें बाशींग आतां तूंच व्हरून आमगेल्या राजकुंवराचे तकलेक बांद आनी ताका घेवन हांगा यो.

जाण्टेलो : बरें म्हाराज.
(वता आनी रोकडोच भायर येता. येतना ताच्या वांगडा कपालाक बाशींग बांदिल्लो आनी हातांत माळ घेतिल्लो राजकुंवर आसता. मजगती कुकडांमंत्री थंड आवाजांत धोलकें बडयता.)

कोलेश्वर : न्हवऱ्याक हाडलो? बरें जालें. (म्हऱ्यांत वचून राजकुंवराक मात्सो तोखेता. ताच्या हातात माळ सारकी दिता) आरे जाण्टेल्या, आमगेली म्हाराणी खंय? ती येना खंय न्हवऱ्याबरोबर?

जाण्टेलो : म्हाराणीन सांगलां म्हाराज, ती आनी तिगेल्यो दासयो फाटल्या दारान येतात म्हुणून.

कोलेश्वर : अशें? बरें आसा. येवंदी तांकां कशी येतात तीं! चलात, आमी आतां व्होर भायर काडया. जाण्टेल्या, आतां मुखार

कितें करपाचें तें तूंच सांग सगळ्यांक समजावन.

जाण्टेलो : सांगतां. (ताळो खांकरून) आयकयात रे! सगळे जाण कान दिवन आयकयात! (कोलेश्वर धरून सगळे जाण कान दितात.) आतां सगळ्यांनी हांगाच्यान एके वोळीन भायर सरपाचें! (सगळे जाण एक वोळ करतात. ह्या वेळार भायर लोक आसल्यार तांणी येवन वोळीक उबें रावपाचें. सगळ्यांत फुडें राजकुंवर, मागीर कोलेश्वर, नंतर आप-आपल्या मानाप्रमाण हेर) कोणेंच त्या कुल्ल्यांक पळोवन रोकडीच लाळ गळोवपाची ना!... हांवें कुरू करतगेरूच तांचेर खावपाक उडकी घालपाची!.... कळ्ळें?

सगळे कोले : हय, हय! कळ्ळें!

जाण्टेलो : कुकडांमंत्री धोलकें वाजयतलो, (कुकडांमंत्री वाजप वाजयता) त्या वाजपाचेर सगळ्यांनी म्हज्या बरोबर पद म्हणपाचें. समजलें ?

सगळे कोले : हय, हय ! समजलें !

जाण्टेलो : म्हणात तर,
"घांसाक तीन ! घांसाक चार !
घांसाक तीन ! घांसाक चार !"

(सगळे कोले एका सुरांत म्हण्टात आनी वोळीन भायर सरून वतात. पड्डो पडटा .)

❑ ❑ ❑

देखाव : ४

थळ : न्हंयची देग. देगेर एक पारो आसा.
वेळ : रात

(पङ्डो उगडटा तेन्ना खुबश्यो कुल्ल्यो पाऱ्याभोंवतणी जमून घोली खणपाचो वावर करतना दिसतात. थोडऱ्या वेळान वावर सोपता तश्यो कांय कुल्ल्यो येवन गजालींक बसतात.)

प्रधानुली : जालें बाये एकदाचें काम पुराय!

घोलमंत्रीण : हय तर, राज्यभर दादले आनी वायलो वावरूंक आयल्यो म्हुणून काम इतले वेगीन पुराय जालें! आमगेलो कुल्लो म्हाराज वुसून आयलो आदाराक. पळय आजूनय कसो वावुरता तो थंय.

खडपांमंत्रीण : आमगेली म्हाराणी कुल्ल्यांलो हो एकवट पळोवन एकदम खूश जातली न्ही?

घोलमंत्रीण : हय तर. जातलींच! आमी कामच केलां तशें!
(इतक्यांत कुल्ल्यांवंती राजकन्येक वरोवर घेवन येता. कन्येच्या कपलाक वाशींग, हातांत माळ आसा. तिका पळोवन सगळ्यो जाण्णी उठून तिचो जयजयकार करतात.)

कुल्ल्यांवंती : (पारो नियाळत) जाली न्ही सगळी तयारी ?

प्रधानुली : हय म्हाराणी, जाली.

कुल्ल्यांवंती : गांवांत जितके लोक आसात, तितक्यांकय घोली खणल्यात न्ही?

प्रधानुली : हय म्हाराणी. राज्यांतल्या प्रत्येकाचें नांव घेवन हांगा घोल खणल्या.



जाण्टेली : राणी सायविणी, हांगाची सगळी तयारी वेसवरी जाल्या. राज्यांतल्या ल्हान-व्हडान हांगा येवन आपखोशयेन वावर केला. फाटल्या तीन दिसांसाकून गांवांत कोणूच न्हिदलोना.

प्रधानुली : म्हाराणी, तुमच्या आनी राजकन्येखातीर आमगेल्या म्हाराजानी स्वता घोल खणल्या. ह्या कामात ते कितके फिशाल तें खबर आसाच तुमकां!

कुल्ल्यांवंती : शाब्वास! भले शाब्वास! म्हज्या मोगाळ कुल्ल्यांनो, तुमी केल्लें हें काम आनी दाखयिल्लो एकवट पळोवन म्हाका तुमचो अभिमान दिसता! (सगळ्यो कुल्ल्यो उमेदीन हद्दें मुखार काडटात) मात आतां हांगा चड वेळ व्हगडावपाचो ना. सगळ्यांनी जाता तितले बेगीन आप-आपले घोलींत वचून बसपाचें. समजलें?

सगळ्यो कुल्ल्यो : हय म्हाराणी, समजलें.

कुल्ल्यांवंती : मागीर वचात तर सगळी जाणी आपआपल्या बिळांत! (कुल्ल्यो वचूंक वताता) आं! पूण.. रावात रावात! वच्चे आदीं परतून एकदां फुडें कितें करपाचें तें सारके आयकून घेयात! (कुल्ल्यो थांबतात) आज्जे, सांग पळोवया तूं ह्या कुल्ल्यांक, तांणी आतां कितें करपाचें तें!

जाण्टेली : आदन्या राणीसायविणी ! (नेट हाडून) आयकयात गो कुल्ल्यांनो, बरें बारीकसाणेन आयकयात! (कुल्ल्यो बारीकसाणेन आयकतात) तर सगळयांनी आतां वचून आप-आपले घोलीर फतकल मारून बसपाचें. पोंदाक घोल आसा हाचो दुस्मानाक मात पूण दुबाव येवंक जायना! दुस्मान लागीं पावले म्हण्टकच हांव म्हण्टली,

"थंय थंय बुळूक्क बुळूक्क!

थंय थंय बुळूक्क बुळूक्क!"

तशें तुमीय मोटयान म्हणपाचें आनी इल्लोय वेळ व्हगडायनासतना बुळूक्क करून आप-आपल्या घोलींत भितर वचपाचें! कळ्ळें सगल्यांक?

सगळ्यो कुल्ल्यो : हय, हय. कळ्ळें आमकां!

(इतक्यांत पयसुल्ल्यान कोल्यांचो आवाज आयकूंक येता.)

नेण्टेली : (पयस नियाळटा मागीर अकांतून बोवाळ मारता) धांवात!.... धांवात!.... म्हाराणी दुस्मान लागीं पावले!

कुल्ल्यांवंती : दुस्मान लागीं पावले? पावूं! आमकां कांयच भिवपाची गरज ना. तांचेकडेन चार हात करूंक आमी एकदम तयार आसात! (कुल्ल्यांक उद्देशून) म्हज्या मोगाळ आनी हुशार कुल्ल्यांनो, आतां सगळीं जाणा जाता तितल्या वेगीन आप-आपल्या घोलीकडेन वचात!... मोठ्या हिकमतीन आप-आपली मेंटां सांवाळात! दुस्मान व्हड आसलो तरी आमीय दुवळी नात म्हणपाचे तांकां दाखोवन दियात!

सगळ्यो कुल्ल्यो : म्हाराणी, आमी तुमकां उतर दितात, आतां दुस्मानांक हारोवनच तुमकां तोंड दाखयतलीं!

कुल्ल्यांवंती : शाब्वास! चलात, दाखयात तुमचें कर्तुप! (सगळयो कुल्ल्यो पान्यावयल्या घोलींनी भितर सरतात. तांच्यो तकल्योच आतां वयर दिसतात.)

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001236

कुल्ल्यांवंती : (राजकन्येक) चल गो बाय, आतां आमीय आमच्या मेंटार या! (राजकन्येक घेवन आपल्या घोलींत भितर सरता. इतक्यांत कोल्यांचो व्होर थंय वाजयत-गायत पावता.)

"घांसाक तीन, घांसाक चार!
घांसाक तीन, घांसाक चार!"

(कोले पाऱ्याच्या लागीं पावतात.)

जाण्टेली : "थंय थंय बुळूक्क बुळूक्क!
थंय थंय बुळूक्क बुळूक्क!"

(सगळ्यो कुल्ल्यो तशेंच म्हण्टात आनी कोले पाऱ्यार उडक्यो घालपाक लागताच बुळूक्क करून भितर वतात. कोल्यांचे हात-पांय, नांकां-तोंडां पाऱ्याचेर आपटून रगतां येतात. ते बोवाळ-किंळच्यो मारीत जमनीर पडटात. चडशे सगळे कोले मरतात. कोलेश्वर आनी जाण्टेलो जमनीर वळवळत पडटा.)

कोलेश्वर : आवयऽऽ गे! आवयऽऽ!

जाण्टेलो : देवा, हात-पांय मोडले रे म्हजे! (रडटा)

(जाण्टेली कोल्यांचो सुगाव घेत भायर सरता.) कोल्यांक पळोवन तिका उमेद जाता.

जाण्टेली : (मोठ्यान) राणीसायबिणीऽऽ! राणीसायबिणीऽऽ! बेगीन यो भायर घोलींतली! पळय आमगेल्या दुस्मानांची गत कितें जाल्या ती!

(कुल्ल्यांवंती दप-दपत भायर सरता. फाटोफाट बाकीच्योय कुल्ल्यो भायर येतात.)

कुल्ल्यांवंती : आवयस्स! खऱ्यांनी म्हगे आज्जे. मोडून मुड्डो जालो पळय सगळ्या कोल्यांचो.

प्रधानुली : (कोल्यांक बारीक नियाळून) चडशे कोले मेले पळय म्हाराणी

रगतां व्हांवन !

घोलमंत्रीण : जितो उरला तो फकत कोलेश्वर राय !

खडपांमंत्रीण : तो सोयरीक घेवन आयिल्लो जाण्टेलोच अर्दो जितो आसा पळय !

कुल्ल्यांवंती : अशें ? ? मागीर पळयतात कितें ? घालात त्या दोगांय चोरांक यतीश्ट लडो ! मोडात तांची एक-एकट्यांची कमरां !. . . . परतून केन्ना आमचे वाटेक येतले काय म्हुणून विचारात तांकां !

(सगळ्यो कुल्ल्यो धांवतात आनी कोलेश्वर आनी जाण्टेल्याक पेट घालतात. तशे ते धांवन येवन कुल्ल्यांवंतीचे पांय धरतात.)

कोलेश्वर : कुल्लेमावशेऽऽ, चूक जाली ! भोगशीय !. . . . हे फुडें आमी तुमकां केन्नाच त्रास दिवचेनात ! तुमचे वाटेक बुसून केन्ना येवचेनात !

जाण्टेलो : . . .आनी हांव तुमचे कन्येक केन्नाच सोयरीक घेवन येवचोना !

कुल्ल्यांवंती : खरें म्हरे ? आज हय म्हुणून फाल्यां विसरचेनात म्हरे ?

कोलेश्वर : ना !. . . . खऱ्यांनीच ना !

KONKANI CENTRE LIBRARY

जाण्टेलो : आमगेल्या दोन दोळ्यांच्यान तर ना!

कुल्ल्यांवंती : चलात गो, सोडात तांकां! वचनी तांकां तांचे वाटेन! शरण आयिल्ल्यांक मारप बरोबर न्ही! (कुल्ल्यो दोगांयकय सोडटात, तशे ते लंगडत कुट्त रानांत धांव मारतात. ते पळोवन सगळ्यो कुल्ल्यो व्हड व्हडान हांसतात.)

प्रधानुली : बरी शिकयली बुद्द् कोल्यांक! आतां ते आमचे वाटेक वचपाचें सपनांत बुसून केन्ना चिंतपार नात!

जाण्टेली : चड शाण्यांक फातरांचें शीत म्हण्टात तें अशें! आमी ल्हान म्हुणून आमकां खावंक पळयताले न्ही? आता आपलेच हात-पांय घेतले न्ही मोडून!

घोलमंत्रीण :
वडपामंत्रीण : आनी मरण फावो जालें ना अर्द्या कोल्यांक? (मोठ-मोठ्यान हांसतात)

कुल्ल्यांवंती : जाण्टेलेऽऽ, हें सगळें तुकाच लागून जावंक पावलें. तुकाच लागून राज्यभर कुल्ल्यो एका व्हडल्या संकश्टांतल्यान वांचल्यो! तुजे उपकार कशे मानचे म्हुणून म्हाका कळना!

जाण्टेली : उपकार कसले बाये तांतूत?... तुमी सगळीं म्हजी भुरगीं कशीं! तुमकां संकश्टांतल्यान वांचोवप म्हजें कर्तव्यूच!

कुल्ल्यांवंती : आयच्यान आज्जे तुवें कसलेंच काम करप ना! आयच्यान तुवें बसून खावपाचें! आमी सगळीं काम करतलीं आनी तुका वाडटलीं!.... म्हणात गो सगळीं, "जाण्टेले आज्जेचो जय जावं!"

सगळ्यो कुल्ल्यो : जाण्टेले आज्जेचो जय जावं!... जाण्टेले आज्जेचो जय जावं! कुल्ल्यांवंती म्हाराणीचो जय जावं!.... सगळ्यो कुल्ल्यो सुखान रावं!

(जयजयकार चालू आसतना पड्डो पडटा. नाटकुलें सोंपता.)

❑ ❑ ❑

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
836

A

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: व्हड शाण्यांक
फातरांनीं शीत !

YEAR: 2001

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ________________

1. Books lost, tom, defaced, marked or dam aged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

‘**चड शाण्यांक फातरांचें शीत!**’ हें आमच्या प्रकाशनाचें पयलें वयलें बाळक. कोंकणींतली एक समर्थ अशी कथा लेखिका आनी लोकवेद संशोधिका श्रीमती जयंती नायक हिच्या लेखणेंतल्यान साकाराक आयिल्लें हें बालनाटक घेवन कोंकणी प्रकाशन माचयेर पावल घालतना आमकां उपाट खोस भोगता. हें पुस्तक म्हणजे लेखिकेच्या सर्जन कळाशीचो एक आगळोच दिश्टावो. एके लोककाणयेक भरजरी, रंग-रंगयाळो पोशाख अतिशय कलात्मकतेन घालून सादर करपाखातीर तिणें भुरग्यांमुखार दवरिल्ली आसा. कोंकणी क्षेत्रांत बालनाटकाची आशिल्ली उणीव थोडीतरी भरून काडपाक, निश्चितच हें पुस्तक आदार करतलें.

‘ल्हानांतल्यानच व्हडाची निर्मणी जाता’, ह्या तत्वाक धरून आमी ह्या पिटकुल्या पुस्तकावरवीं प्रकाशन क्षेत्रांत प्रवेश केला. आमचे हावेस व्हड आसात. तांचे पुर्ततायेक बरेंच वावुरचें पडटलें हाचीय आमकां जाण आसा. ह्या अभियानात, समेस्त साहित्यमोगी आनी वाचकांचें पाठबळ मेळटलें अशीच आमी अपेक्षा बाळगितात.

राजाई प्रकाशन